**अहमदाबादेत Goa@60 चेर रोड शो जालो**

ता. 12 सप्टेंबर 2022

गुजरात राज्यांतल्या अहमदाबाद शारांत गोंय पर्यटन उदरगत महामंडळा वतीन Goa@60 ह्या संकल्पनेचेर आयोजीत रोड शो जालो. ९, 10 आनी 11 सप्टेंबर अशें तीन दीस जाल्ल्या रोड शो चे उक्तावण माहिती आनी प्रसिध्दी खात्याचे संचालक श्री दीपक बांदेकर हांचे हस्तुकीं जाले.

पर्यटन खात्याचे उपसंचालक श्री. कुलदीप आरोलकर, गोंय पर्यटन उदरगत महामंडळाचे उपमहावेवस्थापक श्रीमती. निन्फा दा सिल्वा, मार्केटिंग वेवस्थापक श्री. हरीश साटेलकर, सहाय्यक पर्यटन अधिकारी श्री. प्रदीप बिन्नर, माहिती आनी प्रसिध्दी खात्याच्यो माहिती सहाय्यक श्रीमती. संघमित्रा फळदेसाय हांची ह्या वेळार उपस्थिती आशिल्ली.

गोंय राज्यांतल्या पर्यटनाक उर्बा दिवपा खातीर गोंय पर्यटन उदरगत महामंडळान अहमदाबाद शारासयत देशांतल्या उदयपूर, वाराणसी, मदुराय, तिरुवनंतपुरम आनी म्हैसूर शारांत Goa@60 ह्या संकल्पनेचेर रोड शो आयोजीत केला. पयलो रोड शो अहमदाबाद शारांत जालो.

गोंयान फाटले वर्स मुक्तीचे ६० वे वर्स म्हूण मनयले. गोंय सरकारान राज्याचो इतिहास, समृद्ध सांस्कृतीक वारसो, जेवणां-खाणां संस्कृती आनी उदरगतीचे प्रदर्शन अशा रोड शो वरवीं देशांतल्या कांय मुखेल शारांनी करपाचो निर्णय घेतला. गोंय राज्यांत पर्यटनाक उर्बा मेळपावांगडाच राज्यांत गुंतवणूकीक प्रोत्साहन मेळपाक रोड शो ची मदत जातली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/521

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji